# शंभर प्रतिशे निकाल लागिल्ल्या सरकारी शाळांच्या मुख्याध्यापकांचो सत्कार

ता. 14 जून 2018
24 जेष्ठ 1940

शिक्षणाच्या बाबतीत शिक्षण खाते खुप जागरूक जाल्ले आसा. सरकारी हायस्कूलातल्या शिक्षणाचो दर्जो वाडोवपाखातीर खात्यान वेगवेगळे कार्यक्रम आनी येवजण्यो सुरू केल्यात. हया वर्सा गोंय शालांत मंडळान घेतिल्ल्या धावेंच्या परिक्षेत सरकारी हायस्कूलांचो निकाल खूप बरो लागला. खुबशा शाळांचो निकाल शंभर प्रतिशे लागला. मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर सरकारी हायस्कूलातल्या शालांत परिक्षेच्या निकालाविशी खुश आसात. आपल्या शाळांचो निकाल शंभर प्रतिशे लागचो म्हुण मुख्याध्यापक आनी शिक्षकांनी खुप कश्ट घेतल्यात. शंभर प्रतिशे निकाल लागिल्ल्या कांय शाळांच्या मुख्याध्यापकांक शिक्षणाधिकारी जाल्यार ग्रेड एक शिक्षकांक मुख्याध्यापकाची बढती दिवपात येतली. सरकारी शाळांनी जाय आशिल्ल्या शिक्षकांची भरती करपाखातीर प्रक्रिया चालू आसा अशें शिक्षण संचालक श्री. जी.पी.भट हांणी काल पर्वरी शिक्षण खात्याच्या परिशद सभाघरात शालांत परीक्षेत उत्कृश्ट निकाल लागिल्ल्या सरकारी हायस्कूलाच्या मुख्याध्यापकांच्या सत्कार सुवाळयात उलयताना सांगले.

शिक्षण खात्याच्यो प्रशासन संचालक श्रीमती मेघना शेटगांवकर, गोंय शिक्षण विकास महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. कांता पाटणेकर, गोंय शालांत आनी उच्च माध्यमिक परीक्षा मंडळाचे अध्यक्ष श्री. रामकृष्ण सामंत, शिक्षण खात्याचे उपसंचालक श्री. शैलेश झिंगडे आनी मुख्यमंत्र्यांचे विशेश अधिकारी श्री. सिताराम नाईक हयावेळार हजर आशिल्ले.

श्री. भट हांणी फुडें सांगले, हालीच नवी दिल्लीत जाल्ल्या तज्ञ समितीच्या बसकेत पूर्व प्राथमिक आनी प्राथमिक शिक्षण विभाग शिक्षण खात्याखाला हाडपाची सूचोवणी केल्या. तेखातीर पूर्व प्राथमिक शिक्षकांक आवश्यक प्रशिक्षण दितले. शिक्षकांनी आपल्या शाळांचो शालांत परीक्षेत निकाल बरो लागचो म्हुण विद्यार्थ्यांच्या शिक्षणाचेर भर दिवपाक जाय. विद्यार्थी नापास जायनासतना फुडले इयत्तेत वचत रावले जाल्यार अर्ध्यार शाळा सोडपी भुरग्यांचे प्रमाणय कमी जातले, अशेंय तांणी सांगले.

तिसवाडी तालुक्यात वित्त साक्षरता हया सारखो वेंचीक विशय सुरू केला. योगा आनी मुल्य शिक्षण अशेंय कांय विशय रोखडेच सुरू करपाचे आसात. श्री. भट हांणी सरकारी शाळांनी

दर्जेदार शिक्षण दिवपाखातीर शिक्षकांनी प्रयत्न करपाचे आवाहन करून उत्कृश्ट शालांत परीक्षा निकालाखातीर परीक्षा मंडळाचेय अभिनंदन केले.

गोंय शिक्षण विकास महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. कांता पाटणेकर हांणी शालांत परीक्षेत सरकारी शाळाचो निकाल सतत शंभर प्रतिशे हाडपाखातीर प्रयत्न करपाक सांगले. शिक्षण हे भुरग्याच्या सर्वांगिण विकासाखातीर आसपाक जाय. विद्यार्थ्यांक शिकतना खुप अडचणी येता तेखातीर तांच्या अडचणीकडेन लक्ष दिवप ही आमची नैतिक जबाबदारी आसा. प्रत्येक शाळेखातीर एका मार्गदर्शकाची नेमणूक करप, नितळसाण विशय सुरू करप, शिक्षकाखातीर प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजित करप अशे वेगवेगळे कार्यक्रम महामंडळावतीन राबोवपात येतले, अशेंय श्री. पाटणेकर हांणी सांगले.

श्री. सिताराम नाईक हांणी शालांत परीक्षेत उत्कृश्ट निकाल लागिल्ल्या सरकारी शाळांचे मुख्याध्यापक आनी शिक्षकांचे अभिनंदन करून हया फुडेंय अशा निकालाची परंपरा कायम राखपाखातीर प्रयत्न करपाक सांगले.

सुरवेक श्रीमती शेटगांवकर हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो. श्री. झिंगडे आनी सरकारी हायस्कूलांच्या मुख्याध्यापकानीय आपले मनोगत हया वेळार व्यक्त केले.